भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी



# दावीद राजा
# (भाग १)

बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Lazarus
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- Ruth Klassen

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2023 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.
देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.

तरणाटो दावीद पळून गेल्लो. राजा सावल ताका मारूंक सोदतालो. दावीद रानांत, चारशें मनशां वांगडा व्हडल्या भुंयारांत रावतालो. केन्ना केन्ना, राजा सावलाचे सैनिक ताका धरपाक खूब लागीं आशिल्ले.



पूण दावीद सुवाती बदलत रावलो.

दोएग सावलाचो नोकरांन, राजाक सांगलें, याजकांनी दावीदाक पळून वचपाक आदार केला. सावलान तांकां मारपाचो आदेश दिलो. पूण फकत डोएगच तें करपाक तयार आशिल्लो! ताणें आपल्या तलवारीन पंचाशीं याजकांक आनी तांच्या कुटुंबांचो वायट पणान खून केलो. तें खूब वायट आशिल्लें.





एक दीस, सावल
दावीदाचो शिकार
करताना, दावीद
आनी ताचे मनीस
लिपून आशिल्ल्या
भुंयारांत भितर
सरलो. सावल
एकलोच आशिल्लो!


भुंयारांत दावीद सहजपणान
सावलाक मारूंक शकतालो.
ताचे बदला ताणें लागीं
सरकून आपल्या धारदार
खंजीरान सावलाच्या
सुटसुटीत वस्त्राचो
एक कुडको
कापलो.
सावल गेलो तेन्ना दावीदान ताका
आपयलो. “तुज्या वस्त्राचो कोनसो
कापून तुका मारूंक नाशिल्यान,
म्हज्या हातांत वायट आनी तुमचे
आड हांव ना हें जाणून घे ...”

सावलान दावीदाक दुखोवपाचो यतन केल्यान ताका दुख्ख जालां अशें सांगलें. पूण रोखडोच ताचो पोरनो राग परत आयलो आनी ताणें दावीदाक मारपाक तीन हजार मनशांचें सैन्य एकठांय केली. एके राती सैन्य न्हिदिल्लें आसतना दावीद आनी ताचो एक सैनिक अबीशाय राजाच्या शिबिरांत सरकून गेले आनी थंय सावल न्हिदिल्लो.





“देवान आज तुज्या
दुस्मानाक तुज्या
हातांत दिला” अबीशाय
फुसफुसलो. “कृपा
करून ताका एकाच
वेळार भाल्यान, धर्तरे
मेरेन मारूंक दि: आनी
ताका दुसरे खेपे मारूंक
पडचो ना.”



दावीदान न्हयकार दिलो. सावलाचें भालें आनी मडकी घेवन तो शिबिरांतल्यान भायर सरलो. वाटेर पलतडीं आशिल्ल्या दोंगुल्ले थावन सावलान ताचें आयकून येमेरेन दावीदान बोवाळ केलो. दावीद ताका मारूंक शकतालो, पूण मारलो ना हें सावलाक आनीक एक फावट दिसलें. आनीक एक पावटीं सावलान दावीदाक दुखावपाचो यतन केल्ल्यान ताका दुख्ख जालां अशें सांगलें. पूण दावीदाक कळ्ळें की सावलाच्या उतराचेर आपूण विस्वास दवरूंक शकना.



ह्या वेळार सॅम्युएल मेलो. तो
संदेष्टो, जाका देवान पयलीं
सावलाक, उपरांत दावीदाक
इज्रायलाचो राजा म्हूण
अभिषेक करुंक सांगिल्लो.
सावलान कितें तरी भयानक
केलें, जें देव मना करता.

ताणें एका बायलेक मेल्ल्या जाग्या थावन सॅम्युएलाक आपोवपाची आदन्या दिली. त्या राती सावलाक एक संदेश आयलो.



“. . . सर्वेस्पर तुजे कडल्यान पयस गेला आनी तुजो दुस्मान जाला. . . सर्वेस्परान तुज्या हातांतल्यान तुजें राज्य फाडून तुज्या शेजाऱ्याक म्हळयार दावीदाक दिलां. फाल्यां तूं आनी तुजे पूत म्हजे वांगडा आसतले. तशेंच सर्वेस्पर इज्रायल सैन्याक पलिस्तींच्या हातांत दितलो.” हें आयकून सावल भियेवन कोसळ्ळो.



पलिस्तीनान इज्रायलाचेर झूज केलें आनी इज्रायलाचे मनीस पळून गेले. फिलिस्तीनांनी दावीदाचो बरो इश्ट जोनाथन, सावल, सावलाच्या पुतांक मारले.



सावलाक धनुर्धरांनी खर जखमी केलो. आनी ताणें आपल्या कवचधारकाक म्हणलें, “तुजी तलवार काडून म्हाका तिचेर धुकल, नाजाल्यार हे वायट लोक येवन म्हजो दुरुपयोग करतले.” पूण ताच्या कवचधारकान न्हयकार दिलो, कारण तो खूब भियेलो. देखून, सावलान एक तलवार घेतली आनी ताचेर पडलो.





सावल आनी ताच्या
पुतांचीं मडीं मेळ्ळीं,
पलिस्तीनांनी तीं मडीं एका
पकडून घेतिल्ल्या इज्रायल
शाराच्या वण्टीक बांदून
दवरलीं. कांय धाडसी
इज्रायल लोकांनी मडीं
सोडयलीं, घरा व्हरून
जळोवन तांचीं हाडां
इझ्राएलांत पुरलीं.



दावीदान ही भिरांकूळ
खबर आयकून, सावल,
ताचो पूत जोनाथन आनी
सर्वेस्पराच्या लोकां खातीर
शोक केलो आनी रडलो
आनी सांजवेळा मेरेन
उपास केलो, कारण ते
तलवारीन पडले.

सावलान दावीदाक मारपाचो यत्न केल्लो तरी दावीदान शेवटाक देवाचो अभिषिक्त म्हूण सावलाक मान दिलो. देवान दावीदाक मान दिलो आनी ताका सावलाच्या जाग्यार राजा केलो.



# दावीद राजा (भाग १)

देवाच्च्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

१ सामुयेल २४-३१, २ सामुयेल १-२

"तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता"
स्तोत्र 119:130

# शेवट

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! जुांव 3:16